**विकसीत गोंय-2047 - सुचोवण्यो/मतां मांडपाक मिसकॉल करचो**

ता. 16 जून 2025

गोंय सरकार "विकसीत गोंय- 2047" चेर डॉक्युमेंट तयार करता. डॉक्युमेंटात साधनसुविधां, सामाजिक-आर्थिक साधनसुविधां, संस्थांत्मक साधनसुविधां अशा तरेकवार म्हत्वाच्या तासांचो आस्पाव आसतलो, जांची सरकाराक गोंय हे विकसीत राज्य करपाच्या वाटचाली खातीर धोरण थारावपाक मजत जातली. व्हिजन डॉक्युमेंट 2030, 2037 आनी 2047 अशां तीन टप्प्यांखातीर तयार करपात येतलो. व्हिजन डॉक्युमेंटात आर्थिक विकास, शेंती, नुस्तेमारी, दुद वेवसाय, भलायकी, शिक्षण, कुशळटाय, रोजगार, खण वेवसाय, उद्देग, खेळ, युवा उदरगत, पर्यावरण आनी हवामान बदल, पर्यटन, संस्कृती, उर्जा, रानां विकास, येरादारी अशां क्षेत्रांचेर भर आसतलो. 2037 मेरेन गोंय पुराय विकसीत राज्य करपाचे सरकारचे व्हिजन आसा. विकसीत गोंय डॉक्युमेंट तयार करतना युवा, गरीब, महिला आनी शेतकार वर्गाचेर खास भर आसतलो. लोकांनी व्हिजन डॉक्युमेंटा खातीर आपल्यो सुचोवण्यो/मतां मांडून आपले योगदान दिवचे "विकसीत गोंय- 2047" ह्या व्हिजन डॉक्युमेंटा खातीर लोकांकडल्यान सुचोवण्यो/मतां मागोवपा खातीर क्युआर कोड प्रकाशीत केला. सुचोवण्यो/मतां दिवपाचो क्युआर कोड https://goaonline.gov.in. चेर उपलब्ध आसा. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय 2047 वर्स मेरेन विकसीत राज्य करपा खातीर लोकांक आपल्यो सुचोवण्यो/मतां दिवपाचो उलो मारला. क्युआर कोडा वरवीं सुचोवण्यो/मतां दिवपाक 30 जुन 2025 मेरेन मुजत वाडयल्या.

आता सरकारान क्युआर कोडा वरवीं सुचोवण्यो/मतां दिवपाक शक्य नाशिल्ल्या लोकांखातीर Missed Call Number 9953953333 जारी केला. मिसकॉल दिवपी व्यक्तिक टेलेकॉलर प्रतिनिधी परतो कॉल करून सुचोवण्यो/मतां घेतले.

लोकांकडल्यान आयिल्ल्या मोलादीक सुचोवण्यांक लागून सरकाराक नवीन उपक्रम, कार्यक्रम, येवजणो आनी धोरणां थारावपाक नक्कीच मजत जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/539

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.